# प्रसिध्दी – पत्रक

**पणजी** - 15 डिसेंबर 2023 गोवा कोंकणी अकादेमीन (i) 2018, (ii) 2019, (iii) 2020, (iv) 2021, ह्या चार वर्सांचे पुरस्कार दिवपाचे थारायला. ह्या चार वर्सांच्या साहित्य – भाशा सेवा पुरस्कारां खातीर अर्ज तशेंच शिफारशी मागयल्यात. **'कोंकणी साहित्य पुरस्कार'** आनी **'कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार'** अशा दोन गटांत हे पुरस्कार दितले.

पयल्या गटांत सर्वोत्कृश्ट साहित्य/ ग्रंथ हांचे खातीर वट्ट आठ पुरस्कार आसात. कविता, कथा/कादंबरी, नाट्यलेखन, निबंद/प्रवासवर्णन, संशोधन /शास्त्रीय, समीक्षा, बालसाहित्य आनी अणकार अशा साहित्य प्रकारांत पुरस्कार दितले.

पुरस्कार (i) 2018 (ii) 2019 (iii) 2020 (iv) 2021 अश्या चार वर्सा खातीर भेटयतले आनी ताचो कालावधी दर वर्साच्या आदल्या तीन वर्सांचो आसतलो ते अशे:-

- (i) 2018 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2015 ते 31 डिसेंबर 2017,
- (ii) 2019 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2016 ते 31 डिसेंबर 2018
- (iii) 2020 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2017 ते 31 डिसेंबर 2019
- (iv) 2021 वर्सा खातीर 01 जानेवारी 2018 ते 31 डिसेंबर 2020 विचारांत घेतले.

ह्या दरेकी पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000/- आसा. तशेंच ह्या गटांत **'गोंयांभायल्या कोंकणी लेखका खातीर'** रू. 25000/- चो साहित्य/ग्रंथ पुरस्काररूय अकादेमी दितली. ताचे नेम आनी अटी सर्वोत्कृश्ट साहित्य / ग्रंथ पुरस्कारांक आसात तश्योच आसात, मात तो खंयच्याय एकाच साहित्य प्रकाराक दिवप जातलो. ह्या गटांतूच **'साहित्य प्रतिभा पुरस्कार'** आनी **'साहित्य प्रज्ञा पुरस्कार'** अशे दरेकी 50,000/- रूपयांचे दोन पुरस्कार साहित्य आनी संशोधनाच्या मळांचेर लक्षणीय वावर केल्ल्या 50 वर्सा वयल्या पिरायेच्या व्यक्तीक भेटयतले. हे जीवन गौरव पुरस्कार आसात.

कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार ह्या गटांत, अकादेमी युवा चैतन्य पुरस्कार, कोंकणी प्रसार माध्यम कला – कौशल्य पुरस्कार, शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ शानभाग पुरस्कार, कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार , कोंकणी कला सेवा पुरस्कार ,कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार अशें पुरस्कार दितली.

युवा चैतन्य पुरस्कार एक आसा आनी तो रू.25,000/- चो आसा. कोंकणी भाशेच्या मळार देखदिणो वावर केल्ल्या 40 वर्सां मेरेनच्या व्यक्तीक हो पुरस्कार दितले. शणै गोंयबाब कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, माधव मंजुनाथ शानभाग कोंकणी भाशा सेवा पुरस्कार, हे पुरस्कार कोंकणी भाशेच्यान्ध विकासाखातीर साबार मळांनी मोलादीक योगदान दिल्ल्या 50 वर्सांपरस चड पिरायेच्या कोंकणी कार्यकर्त्याक दितले. ताची रक्कम रू. 50,000/- आसा. हे जीवन गौरव पुरस्कार आसात. तशेंच कोंकणी भाशेखातीर मोलादीक कार्य केल्ले संस्थे खातीर रू. 50000/- चो **'कोंकणी भाशा सेवा संस्था पुरस्कार '** अकादेमी दितली.

कोंकणी प्रसार माध्यम कला – कौशल्य पुरस्कार आनी कोंकणी कला सेवा पुरस्कार हे दोन खाशेले पुरस्कारूय अकादेमी भेटयतली. हांतुतल्या कोंकणी प्रसार – माध्यम, कला – कौशल्य पुरस्काराची रक्कम रू. 25,000 / आसा. नेमाळीं, दिसाळीं अशा छापील माध्यमांतल्यान कोंकणींतल्यान लिखाण करपी तशेंच इलेक्ट्रॉनीक माध्यमांतल्यान आपलें कला कौशल्य दाखोवपी व्यक्ती खातीर हो पुरस्कार आसा. तर कोंकणी कला सेवा पुरस्कार हो जीवन गौरव पुरस्कार आसा. कोंकणी लोकनाट्य, लोकसंगीत, संगीत निर्देशन, सिने – नाट्य दिग्दर्शन, सिने – नाट्य अभिनय आदी कला क्षेत्रांत पिरायेची पन्नाशी हुंपिल्ल्या आनी भौशीक जिणेंत मोलादीक योगदान दिल्ल्या जेश्ट कलाकारा खातीर हो पुरस्कार आसा. ताची रक्कम रू. 50,000/- आसा.

रोख रक्कमे भायर सन्मानपत्र, मानचिन्न, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्कारांचें स्वरूप आसा. ह्या चार वर्सांच्या साबार पुरस्कारां खातीर पात्र व्यक्तींची शिफारस तशेंच अर्ज ता. 08/01/2024 मेरेन अकादेमीच्या कार्यालयांत पावते करचे अशें आवाहन अकादेमीन केलां.

अर्ज आनी नेमावळ पुस्तिका अकादेमीच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसात. इत्सुकांनी अकादेमीच्या, गोवा संचार भवन, 5 वो माळो बि.एस.एन.एल. पाटो प्लाझा, पणजेच्या कार्यालयांत, कार्यालयीन वेळांत येवन अर्जीपत्रां /शिफारस पत्रां व्हरूं येता. संपर्का खातीर फोन नंबर आसा: 7775891857

तशेंच 2018,2019, 2020, 2021, ह्या चारूय वर्सांच्या पुरस्कारा संदर्भांत खोलायेन माहिती दिवपी नेमावळ पुस्तिका शिफारसपत्रां/अर्जीपत्रां अकादेमीचें Konkaniakademi.goa.gov.in व्हबसायटीचेर उपलब्ध आसा.